**<u>उत्तर गोंयांत पावसाळयात रस्ते खणपाक बंदी</u>**

ता. 1 जून 2022

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान पावसाळयात उत्तर गोंय वाठारांतलो खंयचोय रस्तो वा रस्त्याचो भाग लेखी परवानगी घेतली बगर खंयचीय व्यक्ती, एजन्सी वा संघटनेक खणपाक बंदी लागू केल्या. तशेंच सध्या संबंदीत व्यक्ती वा एजन्सीन रस्ते वा रस्त्याचो भाग खणील्लो आसत जाल्यार तो बेगीनात बेगीन दुरूस्त करपाचो आदेश दिला.

हो आदेश ता. 1 जून 2022 सावन लागू जाला आनी तो 60 दीस मेरेन लागू उरतलो. ह्या आदेशाचे उल्लंघन करपी व्यक्ती/एजन्सीचेर कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/393

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji